॥ अथ श्रीसाईसच्चरीत ॥ अध्याय ११ ॥

॥ श्रीगणेशाय नमः ॥ श्रीसरस्वत्यै नमः ॥ श्रीगुरूभ्यो नमः ॥ श्रीकुलदेवतायै नमः ॥ श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथाय नमः ॥ आतां फाटली कथा व्हरुया मुखार । न्हिदप बाबांचें अशीर फळयेर । नदरो चुकोवन चडप वयर । कळप कुस्तार कुशळटाय तांची ॥१॥ आसूं हिंदू वा मुसलमान । दोगांकूय एकसमान । जालें जीणभर [१]पर्यालोचन । तें हें [२]देवार्चन शिरडीचें ॥२॥ आतां हो अध्याय इकरावो । आवडटो गोड गुरूकथेचो । दिसलें साईचरणांचेर ओंपचो । दृढ भाव धरून ॥३॥ घडटलें अशे तरेन सगुणध्यान । हें इकरा शीवस्तोत्र आवर्तन । पंचभुतांचेर सत्ता प्रमाण । कळटलें व्हडपण श्रीसाईंचें ॥४॥ कशे इंद्र अग्नी वरूण । साईंचे आज्ञेक दितात मान । आतां करुया तांचें दिग्दर्शन । दियात ध्यान श्रोत्यांनो ॥५॥ पुराय विरक्तीची [३]विरक्ती । अशी साईंची सगूण मुर्ती । अनन्य भक्तांक स्वता विश्रांती । करुया स्मरण प्रेमान ॥६॥ गुरूवाक्य एक विश्वासन । तेंच बसपाक दिवया आसन । सकल संकल्पांचो त्याग करून । करुया पुजन ह्या संकल्पान ॥७॥ प्रतिमा यज्ञ सुवात अग्नी तेज । सुर्यमंडळ उदक [४]द्विज । ह्या सातांय वयर गुरूराज । करुया पुजन जावन एकरूप ॥८॥ धरतकूच चरण भक्तीन गुरूचे । गुरूच कित्याक, परब्रह्म हालचें । इतलें सामर्थ्य गुरूपुजेचें । अणभवचें तें गुरूभक्तांनी ॥९॥ पुजपी जितले मेरेन आकाराचो । देहधारीच गुरू गरजेचो । निराकाराक विना आकाराचो । हो निर्धार शास्त्राचो ॥१०॥ सगुणाचें ध्यान करिनासतना । भक्तीभाव केन्नाच येना । आनी

१. विचार. २. पुजा. ३. वैराग्य. ४. ब्राह्मण.

प्रेमळ भक्ती जेन्ना जडना । उगडना कळी मनाची ॥११॥ फूल फुल्ले बगर । गंध पातळना वाऱ्यार । रस नासल्यार भंवरो थंयसर । रावना खीणभर पसून ॥१२॥ सगूण तेंच जाका आसता आकार । निर्गूण तें निराकार । ना तांचे भितर वेगळोचार । साकार निराकार एकूच ॥१३॥ गोठेलें तरीय तें धरिल्लेंच एकठावलें । पातळ जालें तरीय तें धरिल्लेंच म्हणटले । सगूण निर्गूण एकूच जालें । जालें लीन विश्वरुपांत ॥१४॥ दोळे भरून जें मेळटा पळोवंक । चरणांचेर जाच्या माथें दवरूंक । जंय ज्ञान मेळटा भरून घेवंक । जाता आवड तयार थंय ॥१५॥ जांचे कडेन प्रेमाच्यो । खबरो करपाक मेळच्यो । गंध अक्षतांनी जांकां पुजुंक मेळच्यो । म्हणून गरज आकृत्यांची ॥१६॥ निर्गुणा परस सगुणाचें । समजप भोवूच सोंपें । दृढ जातकूच प्रेम सगुणाचें । उपदेश जाता निर्गुणाक ॥१७॥ भक्तांक निर्गूण पडचें नदरेक । बाबा येवजीत उपाय अनेक । अधिकार येसर घेनासले झळकेक । बसयत पयस दर्शना बगर ॥१८॥ एकल्याक धाडीत दुसऱ्या देशांत । दुसऱ्याक एकोडो करीत शिरडींत । एकल्याक वाड्यांतूच घुसपावन दवरीत । करपाक पारायण पोथयेचें ॥१९॥ वर्सां संख्येन हो अभ्यास । जातकूच वाडटलो निर्गूण ध्यास । बसतां न्हिदतां जेवतना मनाक । मेळटलो सांगात श्रीसाईंचो ॥२०॥ आदींच कूड ही नाशवंत । केन्ना तरी वतलीच अनंतांत । म्हणुनूच भक्तींत करची न्हय खंत । [1]अनादी अनंत लक्षुची ॥२१॥ हो विश्वाचो दिसपी पसारो । पूर्ण अदृश्याचो सगलो । अदृश्यांतल्यानूच आकाराक आयलो । वतलोय परत अदृश्यांत ॥२२॥ ही अंतपार नाशिल्ली सृश्टी । व्यक्तीं मदीं तशीच भौसा मदीं । जल्मली ज्या अदृश्यापोटीं । जातली अखेरेक एकरूप थंयच ॥२३॥ म्हणून जर कोणाकूच ना

१. जाच्या आरंभाचो काळ खबर ना असो.

मरण । मागीर बाबांक तरी तें खंयच्यान । सदांच शुद्धबुद्ध [1]निरंजन । अमर ते श्रीसाई ॥२४॥ कोणूय म्हणीत भगवदभक्त । कोणूय म्हणीत महाभागवत । आमकां मात ते साक्षात । दिसले भगवंत मुर्तीमंत ॥२५॥ गंगा वता दर्याचे भेटेक । वाटेर थंड करता तापिल्ल्यांक । जीण दिता देगे वयल्या रुखांक । भागयता तान सकलांची ॥२६॥ संतूय तशेच आसतात । अवताराक येतात आनी वतात । रीत तांचे वागणुकेची मात । पावन करपी आसता संवसाराक ॥२७॥ आकांताची क्षमाशीलताय । सैमीक विलक्षण [2]अक्षोभ्यताय । सरळपण मोवपण सोंशीकताय । तशीच संतुश्टताय उपमे भायली ॥२८॥ दिसपाक जरी देहधारी । तरी तो गुणातीत निर्विकारी । विरक्त निर्मुक्त आपल्या अंतरीं । आसलो जरी वावरत प्रपंचांत ॥२९॥ कृष्ण स्वता जो परमात्मा । तोय म्हणटा संत म्हजो आत्मा । संत म्हजी सजीव प्रतिमा । संत सप्रेमांत तो हांवूच ॥३०॥ [3]प्रतिमारुपूय सोबना संतांक । संत स्थीर स्वरूप म्हजेंच एक । म्हज्या भक्तांचो भार म्हणुनूच । तांचे उदेशीं उखलतां हांव ॥३१॥ संतांक जो अनन्य शरण । हांवूय धरतां ताचे चरण । अशें उलयलो उद्धवाक आपूण । संतमहिमान श्रीकृष्ण ॥३२॥ सगुणांतलो जो सगूण । निर्गुणांतलो जो निर्गूण । गुणेस्तां मदलो जो सर्वोच्च गूण । गुणेस्तांचो गुणेस्त गुणिराजा ॥३३॥ पूर्णपणान जो कृतकृत्य । सदां सहजलाभ तृप्त । जो निरंतर स्वतांत व्यस्त । पावला पलतडी जो सूखदुख्खांचे ॥३४॥ आत्मखोसयेची जो खण । कोणाच्यान जमत वर्णुपाक म्हानपण । अवर्णनीय जो पूर्णपणान । ब्रह्म दैवत मूर्त जो ॥३५॥ काय ही अवर्णनीय शक्ती । दृश्यरुपान भुंयेर अवतरली । सच्चीत सूख खोसयेची मुर्ती । ज्ञानाची इश्टागत तीच ती ॥३६॥ ब्रह्माकार

१. परब्रह्म. २. खोलाय. ३. ''प्रतिमा माझ्या अचेतन व्यक्ती । संत सचेतन माझ्या मूर्ति'' ॥ (एकनाथी भागवत.)

अंतस्कर्ण मुर्ती । जाली जाची संवसार [1]निवृत्ती । सदा निश्प्रपंच ब्रह्मात्म्य ऐक्य स्थिती । आनंदमुर्तीच अशी ती ॥३७॥ ''आनंदो ब्रह्मोति'' कानांत । श्रोते नित्य आयकतात । सुशिक्षीत ते पुस्तकांत वाचतात । भाविकांक अणभव शिरडींत ॥३८॥ धर्म अधर्म आदी जाचें लक्षण । तो हो संवसार भोव विलक्षण । माया कार्यांतल्यान दरेक खीण । करप प्राप्त रक्षण ॥३९॥ पूण हो न्हय आत्मज्ञांचो विशय । तांकां आत्मस्वरुपांतूच आश्रय । ते सदां मुक्त आनंदमय । सदा चिन्मयरूप जे ॥४०॥ बाबा सगल्यांचें अधिश्ठान । तांकां खंयचें तें आसन । ताचेय वयर रुप्याचें शींवासन । भक्तांचे भुकेले ते श्रीसाईं ॥४१॥ बाबांचें पोरणें आसन । वापरांत आसलें जें बारदन । ताचेर भक्तांनी घाली प्रेमान । गादी एक सोबीत ॥४२॥ तशेंच फाट तेंकोवंक वणटीक । दवरलें मोवशें उशें एक । मान दिवन तांचे इत्शेक । बाबानूय तें घेतलें मानून ॥४३॥ राबितो दिसतालो शिरडींत । पूण ते आसताले चराचरांत । साक्षात्कार हो सदांच दाखयत । भक्तांक आपल्या श्रीसाईं ॥४४॥ स्वता जरी निर्विकार । करून घेताले पुजा उपचार । भक्त भावार्था खातीर । स्विकारीत प्रकार सगले ॥४५॥ कोण चंवऱ्यो धरीत । कोण आयण्यान वारो घालीत । शेनाय चौगुडे मंगल वाजयत । कोण ओंपीत पुजन ॥४६॥ कोण हातपांय धुयत । कोण अत्तरगंध पुजा बांदीत । कोण तेरागुणी विडो दान करीत । ओंपताले म्हानिवेद्य ॥४७॥ कोण दोन बोटांनी आडवें गंध । सजयताले जशें शीवलिंग । कोण कस्तुरी मिश्र सुगंध । तशेंच लायताले चंदन ॥४८॥ एकदां तात्यासाहेब नुलकरांचे । इश्ट डॉक्टर पंडित नांवाचे । घेवपाक दर्शन श्रीसाईंचें । आयले एकदांच शिरडींत ॥४९॥ पावल दवरनाच फुडें शिरडींत । गेले

१. वैराग्य.

पयलीं मशिदींत । नमस्कार करून श्रीसाईंक । बसले शांत खीणभर ॥५०॥ साईनी मागीर तांकां सांगलें । दादा भटागेर वच म्हणलें । बोटांनीच मार्गदर्शन केलें । योग्य वाट दाखोवन ॥५१॥ पंडित दादां कडेन गेले । दादांनी तांकां येवकारले । दादा पुजेक भायर सरले । येता काय विचारलें तांकां ॥५२॥ दादा वांगडा पंडित गेले । दादांनी साईंचें पुजन केलें । कोणेंच तेन्ना मेरेन ना धाडस केल्लें । बाबांक तिबो लावपाचें ॥५३॥ कोणूय केदोय येवं भक्त । दिनासले लावंक कपलाक गंध । फकत म्हाळसापती गळ्याक लायत । हेर लायताले पांयांक ॥५४॥ मात हो पंडित भावीक भोळो । दादांच्या हातांतल्यान घेवन पडगो । बाबांच्या कपलाक लायलो । तिबो तीन पट्ट्यांचो ॥५५॥ पळोवन ताचें धाडस । कांपरें भरलें दादांक । आतां राग येतलो म्हूण बाबांक । केदी ही धिटाय म्हणपाची ॥५६॥ अशें अघटीत जरी घडलें । बाबा अक्षरूय ना उलयले । उरफाटे खुशालभरितूच दिसले । तिडकले नात इल्लेय ताचेर ॥५७॥ आसूं, तो वेळ जरी वचपाक दिलो । भंय दादांच्या मनांतूच उरलो । त्याच दिसा सांजे विचारलो । प्रसंग तो परत तांणी साईंक ॥५८॥ आमी गंधाचो तिबो लावपाक । गेल्यार तुमच्या कपलाक । हात पसून दिनात लावपाक । आनी सकाळीं हें कितें घडलें ॥५९॥ कंटाळो आमच्या तिब्यांचो । मोग पंडितांच्या तीन पट्ट्यांचो । कितें अजापीत हो सुवाळो । ताळमेळ हो घडलो कसो ॥६०॥ तेन्ना हांसून गालांत । साईंनी जें सांगलें दादांक । उतरां तीं म्होंवाळ आयकात । दिवन ध्यान भाविकांनो ॥६१॥ ''दादा ताचो गुरू ब्राह्मण । हांव जातीचो मुसलमान । तरी म्हाकाय तोच अशें मानून । केलें गुरूपुजन ताणें ॥६२॥ आपूण व्हड पवित्र ब्राह्मण । हो जातीचो अपवित्र मुसलमान । कशें करूं ताचें पुजन । अशें चिंतलेंना ताणें ॥६३॥ असो म्हाका ताणें फसयलो । ताचे भक्ती मुखार हांव हारलों ।

नाका म्हणप थंयच विसरलों । जिखलो ताणें म्हाका'' ॥६४॥ अशें जरी उत्तर दिलें । दिसलें बाबांनी फकांड केलें । पूण ताचे फाटलें गुपीत कळळें । फाटीं परतले जेन्ना दादा ॥६५॥ बाबांचो हो [1]विजोडपणा । बरोच लागलो दादांच्या मना । पूण पंडिता कडेन उलयताले तेन्ना । कळळी सुसंगतताय रोखडीच ॥६६॥ धोपेश्वराचे रघुनाथ सिद्ध । 'काका पुराणीक' नांवान प्रसिद्द । पंडित आसलो तांचो भक्त । नातें गुरूशिश्याचें तांचें ॥६७॥ तांणी घेतलो काकांचो थाव । तांकां तसोच आयलो अणभव । जाच्या मनांत जसो भाव । भक्ती प्रभावूय तसोच ॥६८॥ आसूं, हे सर्वोपचार करून घेताले । फकत जर तांच्या मनांत आयलें । नाजाल्यार पुजेचीं ताटां भिरकावन मारताले । घेताले अवतार नरशींवाचो ॥६९॥ अशें हें जेन्ना घेताले रूप । कोणूच रावपाक धजनासले फुड्यांत । जिवाचे भिरांतीन सुट्टाले पळत । वृत्ती खवळटाली तेन्ना ॥७०॥ केन्ना तिडकताले अचकीत । भक्तांचेर आकांताचे भडकत । मात केन्ना मेणा परस मोव जायत । पुतळो दया शांतीचो ॥७१॥ केन्ना दिसताले काळाग्नीचो अवतार । भक्तांक धरताले तरसादीचे धारेर । केन्ना जाताले लोणी कशे मवाळ । दिसताले खुशालभरीत तेन्ना ॥७२॥ संतापान जरी लागले थरथरूंक । दोळे गरागरा घुंवडावंक । तरीय काळजांत ओतो मायेक । आवयक भुरग्याचो तसो हो ॥७३॥ खिणांत घालयताले रागाक । उलो मारून आपयत भक्तांक । म्हणटाले ''हांव कोणाचेरूय काडटां तिडक । मनाक जाणीव आसना ताची ॥७४॥ आवय जर घालता भुरग्याचेर खोंट । दर्या जर धाडटा न्हंयेक परत । जाल्यारूच हांव तुमकां करीन पयस । करतलों वायट तुमचें ॥७५॥ हांव म्हज्या भक्तांचे अधीन । आसां उबो

१. विसंगतताय.

राविल्लों कुशीन । सदांच ताच्या मोगाचे भुकेन । दितां उलो उल्याक'' ॥७६॥ कथा भाग हो बरयतां बरयतां । याद जाली तसलीच कथा । देख म्हणून तुमकां सांगतां । आयकात जागरूकतायेन ॥७७॥ आयलो कल्याणाचो एक मुसलमान । सिदीक फाळके नांवान । मक्कामदिना वारी करून । पावलो शिरडी भोंवडेर ॥७८॥ जाणटो हाजी पावतकूच शिरडींत । गेलो उत्तर [१]मुखी चावडेंत । पूण पयल्या णव म्हयन्यांनी । घालिना साईन नदर ताचेर ॥७९॥ आयलिना ताची भक्ती फळाक । मारल्यो ताणें खेपो कैक । तरीय जालिना नदर नदरेक । गेले यत्न सगले फुकट ॥८०॥ मशीद उकती सगल्यांक । नासलो आडपड्डो कोणाक । मात आज्ञा नासली त्या फाळक्याक । येवपाक भितर मशिदींत ॥८१॥ फाळके मनांत खंती जालो । नशिबाक आपल्या खेपपाक लागलो । रातदीस चिंतपाक लागलो । पाप कसलें केलें आपणें ॥८२॥ कितें केल्यार जातले प्रसन्न । बाबा कशे जायत कृपासंपन्न । हेच विचार घोळटाले मनांत । दीसरात फाळक्यांच्या ॥८३॥ इतल्यान कोणें तरी सांगलें ताका । खंती असो जावं नाका । माधवरावाक मेळ एकदां । जातली इत्सा पुराय ॥८४॥ आदीं घेनासतना नंदीचें दर्शन । शंकर जातलो व्हय प्रसन्न । ताकाय वचपाचें तेच वटेन । मेळळें बरें साधन तें ॥८५॥ अतिशयोक्ती ही वयलेचाराक । घडये दिसतली श्रोत्यांच्या मनाक । पूण आयलो हो अणभव भक्तांक । दर्शना वेळार शिरडींत ॥८६॥ जाच्या मनांत बाबां कडेन । जावचें उलोवप शांतपणान । वच्चें ताच्याच सांगातान । माधवरावान सुरवातीक ॥८७॥ आयला कोण हो कित्या पासत । गोड उतरांनी कळोवचो हेत । सुरवात जातकूच समर्थ । जातले मागीर तयार उलोवपाक ॥८८॥ आयकून तें

१. शिरडींत एकामेकांक फुडो करून दोन चावड्यो आसात. एक उत्तरेक तोंड करून आनी दुसरी दक्षीणे वटेन फुडो करून.

सगळें । हाजीन माधवरावांक म्हणलें । ''एकदांच सोंपयात म्हजे हे तळमळे । दियात दुर्मीळ तें मेळोवन'' ॥८९॥ पडले भिडेक माधवराव । केलो ठाम मनाचो निच्छेव । फातर उडोवन घेवया थाव । आसूं वा नासूं कार्य कठीण ॥९०॥ धाडस करून मशिदींत गेलो । संद पळोवन विशय काडलो । ''बाबा तो म्हातारो भोव तिश्टलो । करात उपकार ताचेर ॥९१॥ करून वारी मक्कामदिना । आयला शिरडींत तुमच्या दर्शना । काकुळट ताची कशी येना । घेयात न्हय ताका मशिदींत ॥९२॥ लोक अनेक येतात । मशिदींत दर्शनाक वतात । कोणूच तांकां आडायनात । हाकाच कित्याक घेनात भितर ॥९३॥ घेयात न्हय ताका मशिदींत । कृपा एकदांच ताचेर करात । वतलो तोय तत्काळ परत । जावन खुशालभरीत'' ॥९४॥ ''श्याम्या अजून तुजे दुदाचे दांत । सारके झडिल्ले नात । नासतना ताचेर अल्लाची [१]खुदरत । कितें हांव करतलों ताका ॥९५॥ नासतना अल्लामियांचो उपकारी । कोण चडटलो हे मशिदीची पायरी । अघटीत हांगाच्या फकिराची करणी । न्हय हांव धनी ताचो ॥९६॥ आसूं, कांय अंतराचेर बांय कडेन नीट । आसा जी एक पांयवाट । चलून येशीत व्हय तूं नीट । चल विचार स्पश्ट ताका'' ॥९७॥ हाजीन म्हळें ''कितलीय बिकट । आसल्यार चलतलों हांव ती नीट । पूण म्हाका दियात प्रत्यक्ष भेट । दियात बसपाक पांयां कडेन'' ॥९८॥ आयकून शामा कडल्यान हें उत्तर । साईंन म्हणलें आनीक विचार । ''चार फावटीं चाळीस हजार । दितलो व्हय तूं म्हाका'' ॥९९॥ माधवरावान सांगतकूच हो निरोप । हाजीन म्हळें ''हें कितें जालें विचारप । दितलों चाळीस लाख पसून जर मागीत । हजारांचें कितें बसला घेवन'' ॥१००॥ ताचेर साईंन म्हणलें ताका विचार ।

१. ईश्वरी शक्त.

''आयज बकरो कापपाचो विचार । आसा आमचो मशिदी भितर । मास तुका कसलें जाय ॥१०१॥ वा जाय तुका हाड, पेंगट । काय अंडकोशाची आस मनांत । कितें जाय ताका निश्चीत । चल विचार त्या म्हाताऱ्याक'' ॥१०२॥ माधवरावान सगलें सांगलें । हाजी विशीं साईं जे उलयले । हाजीन ठामपणान म्हणलें । ''नाका म्हाका तातूंतलें कांयच ॥१०३॥ दिवपाचेंच आसल्यार दियात । एकूच आस आसा मनांत । [१]कोळंब्यांतलो कुडको मेळत । जाल्यार कृतकल्याण जातलें म्हजें'' ॥१०४॥ हाजीचो हो रकाद घेवन । माधवराव आयलो परतून । करतकूच साईंक तें निवेदन । खवळळे बाबा अचकीत ॥१०५॥ कोळंबो आनी उदकाची घागर । उबारून भिरकायल्यो दारार । हात चाबून करकर । आयले कुशीक हाजीच्या ॥१०६॥ हाजी मुखार आपली कफनी । वयर उबारून दोनूय हातांनी । म्हणलें ''समजता तूं स्वताक व्हडलो ज्ञानी । झेत मारता व्हय म्हजे मुखार ॥१०७॥ जाणटेपणाचो झेत दाखयता । अशेंच व्हय तूं कुराण वाचता । मक्का गेल्ल्याचो अहंकार धरता । पूण तूं वळखना म्हाका'' ॥१०८॥ असो ताका तापयलो । वायट उतरांनी हिणयलो । हाजी सामको गळसणलो । आयले साई परत ॥१०९॥ मशिदीच्या जेन्ना आंगणांत पावले । अस्तुऱ्यो दिसल्यो विकतना आंबे । पांटले भरून ते विकत घेतले । धाडले रोखडेच हाजीक ॥११०॥ तशेच रोखडेच फाटीं परतले । परत त्या फाळक्या कडेन गेले । पंचावन रुपया बोल्सांतल्यान काडले । दवरले ताच्या हातार ॥१११॥ थंयच्यान मागीर प्रेम बसलें । हाजीक जेवपाक आपयले । दोगूय जशें सगलें विसरले । हाजी एकरूप जाले आपल्या रंगांत ॥११२॥ मुखार ते गेले आयले । बाबांचे भक्तीन उपाट रंगले । उपरांत

१. भाकरेचे कुडके दवरपाचें मातयेचें आयदन.

बाबांनीय दिले । वेळावेळार रुपया तांकां ॥११३॥ आसूं, एकदां श्रीसाईंक । पळयले आळयतना इंद्राक । कुपांचेरूय तांचो पूर्ण शेक । दिसलें अजाप सगल्यांक ॥११४॥ मळब दाटिल्लें काळखान । सुटिल्लो वारो नेटान । सुकर्णी सावदां कांचेवन । भोव भिरांकूळ असो वेळ तो ॥११५॥ जालो सुर्यास्त सांजवेळ । अचकीत उठली वावटळ । जालें आकांताचें वादळ । जाली धांदळ सगल्यांची ॥११६॥ तातूंत नेटाचो गडगड । जोगलांचो कडकड । वाऱ्याचो नेट भिरांकूळ । कोसळ्ळो पावस उटंगारांचो ॥११७॥ आयिल्लो ताचेर सांवार । तातूंत कऱ्यांचोय शिंवर । गांवकारांच्या काळजांत थरथर । धांवपळ गोरवां वासरांचीय ॥११८॥ मशिदीचे पांवळेक । दरिद्री भिकारी आयले आसऱ्याक । गोरवां वासरांय पाख्या पोंदाक । जाली गर्दी मशिदींत ॥११९॥ चारूय वटयां उदक जालें । तण सगलें व्हांवून गेलें । शेत भात भिजून गेलें । रडलीं काळजां शेतकारांचीं ॥१२०॥ लोक सगले भियेले । सभामाटवांत येवन जमले । कांय जाण मशिदीचे पांवळेक रावले । घालें गाराणें श्रीसाईंक ॥१२१॥ जोगाई जाखाई मरीआई । शनी शंकर अंबाबाई । मारुती खंडोबा म्हाळसाई । जाग्या जाग्यांचेर शिरडींत ॥१२२॥ पूण कठीण प्रसंग येता तेन्ना । लोकांच्या आदाराक एकलोय येना । तांचो तो चलतना उलयतना धांवतना । पावता संकश्टाक एक साई ॥१२३॥ लागना तांकां बोकडो कोंबो । लागना पयसो आडको । तो फकत भक्तीचो भुकेल्लो । व्हरता लयाक संकश्टां ॥१२४॥ पळोवन लोकांक अशे भियेल्ले । काळीज साईंचें पाझरलें । गादी सोडून मुखार आयले । रावले उबे दरवट्यार ॥१२५॥ मारतालो आकांताचो गडगड । जोगलांची भिरांकूळ तडतड । तातूंत साईम्हाराजान रावून दरवट्यार । घालो उलो व्हडल्यान ॥१२६॥ आपल्या जिवा परस आपले भक्त । देवाक आवडटात साधूसंत । देव

तांच्या उतरांनी वागतात । घेतात अवतार रुपांत तांच्या ॥१२७॥ आयकून भक्तांचो उलो । देवाक लागता कळवळो । घेता भक्तांचो भार सगलो । भावना तांच्यो वळखून ॥१२८॥ मारलो उल्यार उलो । आवाज चारूय दिशांनी घुमलो । दिसलें मशिदींत भुंयकांप जालो । कानठळ्यो बसल्यो सगल्यांच्यो ॥१२९॥ आवाजान त्या महाप्रचंड । थरथरलें देवूळ मशीद । कुपांनी तेन्ना थांबयलो गडगड । आयलो पावसूय आसरून ॥१३०॥ बाबांचो तो उलो आकांताळो । आख्खो सभामाटव हाल्लो । लोक सगळो कांपरेलो । जालो स्तब्ध जाग्यारूच ॥१३१॥ गूढ चातूर्य बाबांचें । जालें पावसाकूय आकर्शण ताचें । वारोय थांबलो थंयचे थंयच । पयसावलें धुकेंय खीणभरांत ॥१३२॥ हळू हळू पावस आसरलो । वाऱ्याचोय नेट उणो जालो । मळबांत चंद्र दिसूंक लागलो । दिसूंक लागलीं नखेत्रांय ॥१३३॥ मुखार पावस थांबलो पुराय । निवळ्ळो नेट वाऱ्याचोय । दिसूंक लागलो पूर्ण चंद्रूय । जाली खोशी सगल्यांक ॥१३४॥ दिसलें इंद्राक काकुळट आयली । राखूंक जाय संताची वाणी । कुपां फाफसलीं जळींमळीं । जाली शांत वावटळ ॥१३५॥ पावस पुराय थांबलो । वारोय मंद व्हांवपाक लागलो । गडगड जाग्यारूच जिरलो । आयलो धीर सुकण्या सावदांक ॥१३६॥ घरांच्यो पांवळ्यो सोडून । गोरवां वासरां भायर सरून । वावरूंक लागलीं मेकळ्या मनान । उडलीं सवणींय मळबांत ॥१३७॥ आदलो भिरांकूळ प्रकार । मानून बाबांचे उपकार । गेलो लोक घरोघर । गोरवांय लागलीं वाटेक ॥१३८॥ असो हो साई दयेचो पुतळो । ताका भक्तांचो भोव कळवळो । आवयक जसो भुरग्याचो उमाळो । व्हडवीक कितली सांगूं तांची ॥१३९॥ उज्याचेरूय अशीच सत्ता । ह्या अर्थाची थोडे भितर कथा । श्रोत्यांनो आयकात सादर चित्ता । कळटलें आगळेपण तांकीचें ॥१४०॥ एकदां

दनपारच्या वेळार । धुनींतल्या उज्याचेर आयलो भार । कोण रावत तेन्ना लागीं लागसार । रसरसपी त्या उज्याच्या ॥१४१॥ आकांताचो उजो पेटलो । म्हणटां म्हणटां गादयेक तेंकलो । दिसलें मशिदीचो गोबर जातलो । जातली काबार खिणांत ॥१४२॥ तरीय बाबा मनांत शांत । आयिल्लो लोकांचेर आकांत । पळयताले जावन अजापीत । कितें ही करणी साईंची ॥१४३॥ एकलो म्हणटालो हाडात पाणी । दुसरो म्हणटालो घालचें कोणी । घडये पडत बाबांची तापोवणी । वतलो कोण ते सुवातेर ॥१४४॥ तळमळे जरी सगल्यांक । विचारपाचें नासलें धाडस कोणाक । बाबांनीच घालो हात सटक्याक । थारावन कितें तरी मनांत ॥१४५॥ पळोवन उज्याचो भडको । घेवन हातांत सटको । मारपाक लागले फटक्यार फटको । दिलो आदेश ''वच फाटीं'' ॥१४६॥ धुनी कडल्यान एक हात । खांब्याचेर करपाक लागले आघात । ज्वाळांक पळयत पळयत । ''[1]सबूर सबूर'' म्हणटाले ते ॥१४७॥ दरेका फटक्या कणकणी । ज्वाला मोव पडपाक लागली । भिरांत मुळासयत उडून गेली । जाली धुनी ती शांत शांत ॥१४८॥ असो हो साई संतवर । ईश्वराचोच दुसरो अवतार । माथें तांच्या पांयांचेर । दवरतकूच कृपा करतले ॥१४९॥ जावन श्रद्धा भक्तीयुक्त । करतलो जो अध्यायाचें नित्य । पारायण जावन स्वस्थचित्त । संकश्टमेकळो जातलो तो ॥१५०॥ खूब कितें करूं हांव कथन । करून नितळ अंतस्कर्ण । [2]नेमनिश्ट जायात साईतल्लीन । ब्रह्म सनातन पावतले ॥१५१॥ पूर्ण जातलें सगलें इत्शीत । जातले अखेरेक आस विरयत । पावतले दुर्मीळ [3]सायुज्यधाम । मेळटलो राम अखंड ॥१५२॥ ज्या भक्तांच्या मनांत । परमार्थ सूखशांतीची आस । ताणें ह्या अध्यायांत । दवरची

१. शांत जा, शांत जा ! २. कडकडीत नेम पाळपी. ३. जिवाक ईश्वरा कडेन एकरूप करपी.

पूर्ण आदरवृत्ती ॥१५३॥ नितळ जातल्यो चित्तवृत्ती । कथा आयकल्ल्यान परमार्थ प्रवृत्ती । बऱ्याची प्राप्ती वायटाची निवृत्ती । घेवचो अणभव श्रीसाईंचो ॥१५४॥ हेमाडपंत साईंक शरण । फुडलो अध्याय अतीपावन । गुरू शिश्याचें तें महिमान । घोलप-दर्शन गुरूपुत्राक ॥१५५॥ शिश्याचेर कसलोय प्रसंग येवं । ताणें सोडचो न्हय आपलो गुरूदेव । साई हाचो प्रत्यक्ष अणभव । दाखयता दृढभाव वाडोवन ॥१५६॥ जे जे भक्त आयले भेटेक । सगल्यांकूच दर्शनाची उमळशीक । कितें ना कितें दरेकल्याक । दिवन वाडयली भक्ती तांची ॥१५७॥ संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । श्रीसाईव्हडवीक वर्णन नांवाचो हो इकरावो अध्याय सोंपता हांगाच ॥

॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ॥ शुभं भवतु ॥

❍ ❍ ❍